Akashwani national news 6.30 pm 15th feb 2026

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी  नरेंद्र मोदी सरकाराची शेतकी समाजा कडेन आशिल्ली वचनबद्धतायेची  पुष्टी केल्या, सगळ्या आंतरराष्ट्रीय वेपार करारांत शेतकार, गोरवां पोसपी, आनी नुस्तेकार हांचे हितसंबंद उरतले हाची खात्री केल्या. आयज गुजरातांतल्या गांधीनगरांतल्या महात्मा मंदिरांत देशांतली पयली केंद्रीय बँक डिजिटल चलन (सीबीडीसी) आदारीत भौशीक वितरण पद्दत सुरू केल्या उपरांत ते उलयताले. मंत्री शाह हाणी  विरोधकांच्या दाव्यांक प्रतिकार करून भारत-अमेरिका वेपार करार आनी भारत-युरोपीय संघ मुक्त वेपार करार ह्या दोनूय प्रकारांत शेतकार, गोरवां पोसपी आनी नुस्तेकार हांचे हितसंबंद राखून दवरल्यात अशें सांगलें.

भारत-मध्य उदेंत-युरोप अर्थीक मार्ग (आयएमईसी) जोडणी, रसद आनी वेपार सुनिश्चीत करपा खातीर आसा अशें  वेव्हार मंत्री dr s जयशंकर हांणी सांगलें.काल म्यूनिक सुरक्षा परिशदेंत उलयतना dr s जयशंकर हांणी संयुक्त राश्ट्रांत सुदारणा करपाची गरज आसा, जाका लागून समकालीन भूराजनीतीक वास्तवताय दिसून येता आनी आयच्या जागतीक आव्हानांक तोंड दिवपाक प्रभावी उरता हाची खात्री करपा खातीर मंत्री जयशंकर हांणी भर दिलो.भारताच्या तेल खरेदी विशीं उलयतना तांणी युरोप आनी संवसारांतल्या हेर वाठारां प्रमाण भारतांतल्या तेल कंपनींनी उपलब्धताय, खर्च आनी जोखीम पळोवन  निर्णय घेतात अशे तांणी म्हणले .

म्यूनिक सुरक्षा परिशदेच्या फाटभुयेर  विदेश वेव्हार मंत्री dr s जैशंकर हाणी जी 7 विदेश वेव्हार मंत्र्यां कडेनय संपर्क सादलो. मंत्री जयशंकर हांणी, दर्यावेल्या मार्गांची राखण करप, बंदराची सुरक्षा घटमूट करप, आनी लवचीक पाणबुडी केबल मुळाव्या साधनसुविधां खातीर योगदान दिवप हातूंत देशाची भुमिका भर दिल्या.

आयज पुराय देशांत महाशिवरात्र व्हड दबाज्यान आणि भक्ती भवन मनयतात. गुजरातांत राज्यांतल्या जायत्या शिव देवळांनी महाशिवरात्रि मनयतात. पयल्या ज्योतिर्लिंग, सोमनाथ देवळांत सकाळीं भक्तांची व्हड गर्दी जाली . सकाळीं 4 वरांचेर देवळाचीं दारां दर्शना खातीर उक्तीं केल्लीं आनी 42 वरां मेरेन देवूळ सतत उक्तें उरतलें. देवळाच्या आवारांत आयज भव्य पालकी मिरवणूक काडली, तातूंत व्हड प्रमाणांत भक्त जमले. द्वारका हांगाच्या नागेश्वर ज्योतिर्लिंग देवळांतय भक्तांची जमल्या. मजगती काठमांडूच्या पशुपतिनाथ देवळा भायर सकाळीं 3 वरां सावन महाशिवरात्रि निमतान शिवाची पुजा करपा खातीर लाखांनी भक्तांनी रांक लायली. भारताच्या वेगवेगळ्या वाठारांतल्यान महाशिवरात्रि उत्सवांत वांटो घेवपा खातीर आयिल्ल्या साधू आनी संतांक जेवण, जळपाची लांकूड तशेंच दक्षिणा ही सगळी वेवस्था पशुपति विकास ट्रस्ट प्राधिकरणान केल्या.

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आतां पयल्या दर्ज्याच्या कोचा बरोबर गाडयांचे सामान्य कोच निवळ करतले अशें जाहीर केलां. काल नवी दिल्लींत रेल्वे सुदारणां विशीं पत्रकार परिशदेंत उलयतना मंत्री वैष्णव हांणी सुरवातीक वाडिल्ल्या नितळसाण उपक्रमाक स म्हयन्यां भितर 80 लांब अंतराचे गाडयो वळखून घेतले.ह्या गाडयांनी समर्पीत कर्मचारी तैनात करतले, जाका लागून एक ते देड वराच्या अंतरान नितळसाण करपाची खात्री जातली.

भारतीय हवामान खात्यान आयज हिमाचल प्रदेशात दाट धुकें पडटलें असो अदमास काडला. मजगतीं फाल्यां मेरेन कर्नाटक, कोंकण आनी गोंयचेर उश्ण आनी दमट परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा

बायलांच्या क्रिकेटांत आयज सिडनींत जाल्ल्या तीन मॅचींच्या मालिकेच्या पयल्या बायलांच्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय सर्तींत भारतान यजमान ऑस्ट्रेलियेक णव विकेटींनी हरायले